।। श्री लईराई माता स्तोत्र ।।



2699
DIV-DEV
LAY

॥ श्री देवी लईराईची मूळ मूर्ती

("बोरकार स्टुडिओ" कुडचडेंच्या बरेपणान)

002699
Basti Vaman Shenoy
GOWRI-MADHAV BASTI CORNER
BANTWAL
WORLD
2129

श्री लईराई माता स्तोत्र

ॐ

।। श्री गणेशाय नमः ।।

ॐ नमो गणराया। उमा-पुता मोरया। सिद्धिबुद्धिच्या सूर्या। पाव म्हाका।।१।। आतां नमन तुका सरस्वती। चौंसश्ट कलांचे वीणावती। दी म्हाका बरी मती। रचूंक स्तोत्र श्री लईराईचें ।।२।। घालून दोळ्यांत अंजन।

2699
Devo → Dev.

करता संसार-सागराचें भंजन। त्या श्री साईगुरूंक कर
वंदन। रचचे आर्दी स्तोत्र।।३।। आयजमेरेन जे जा
गेले कवी। जशे व्यास, वाल्मिकी, तुळशीदास
मागतां काव्य-प्रतिभेची चावी। नमळायेन तांचे सरीं।।४
कुळदेवी श्री नवदुर्गे तुका नमस्कार। वंदितां श्री कुळ
भूतनाथ चंद्रेश्वर। दियात काव्य-कलेचो माथ्या
आशिर्वाद म्हज्या।।५।। सवाशिणं केसर-कृष्णाबाय मा
भौमानेस्त यशवंतबाब बापूय। जांचे कृपेन गावली
काय। नमन तांच्या आत्म्यांक।।६।। कलशरुपी हे
लईराई आई। शिरगांववासिनी मोगाळ म्हजे मा
लिखणेची म्हजे कर चाई। उगडूंक तुजे भक्ति
दार।।७।। पंचलवी कलशांतली तुजी सासाय। ज
धारोष्ण दुदावेली साय। मेळोवंक आसा अेकूच उपा
अंतस्कर्णात उपाट भक्ती जाय।।८।। हे तरेची शं

Basti Prakash
Basti Gardens
Thumbay, Bunwal

नंबरी भक्ती। मेळोवंक खंय आसा आमकां शक्ती। तूंच सांग माये योग्य युक्ती। मेळोवंक तुजी कृपा-भक्ती।।९।। तुजे भक्त धोण रावन सोवळे। मोगरे कळ्यांनी भरती गळे। ओंपतात टट्टटीत मोगरे कळे। प्रसन्न तुका करच्याक।।१०।। हजारांनी तुजे धोण भक्तगण। पावोवंक आंगयल्ली आंगवण। निखट्या पांयांनी हुपतात होमखण। रसरशीत इंगळ्यांचें।।११।। पळोवन हो चमत्कार। चंवर फुलता आंगार। मनोमन घट्टा नमस्कार। तुजे सासायेक।।१२।। वैशाख शुक्ल पंचमीक जात्रा जाता। गांवकार चौगुले येता। धर्मीक कार्यावळ सुरू करता। वर्सावळीची।।१३।। श्री लईराईक मोगरे कळ्यांचो सोस। देखून तिचे भक्त धोण दास। सोबैतात तिचो कळस। मोगरे कळ्यांनी।।१४।। कळसाचेर मोगरे कळ्यांचो शिंवर। पिटकोळे-फुलां, आबोले-झेल्यांचो भार।

गर्भकूड भरून ओत्ता दार। श्री सायबिणीचें।।१५
तेदूस कळसांतलें तीर्थ। पुजारी वांट्टा गांवांत। चि
करूंक शांत। समेस्त शिरगांवकारांचें।।१६।। तीन पो
तळयेच्या उदकान। कळस भरतात परतून। अेक
मोगरे कळो वडोवन। त्या कळसांत।।१७।। दुस
वर्सा उगट्टात कळस। त्या अेकाच कळ्याचो सुवास
सुगंधमय करता उदकाची रास। करून धादो
भक्तांक।।१८।। आदलें उदक पोशे तीन। चट्टां कितले
पटीन। गर्भकुड भरता परमळान। अेकाच मोग
कळ्यान।।१९।। धन्य तुजो चमत्कार। आंगार फुल
चंवर। आमचेर येवंचो भक्तिचो भार। अितलेंच माग
सायबिणी।।२०।। घालून देवीक गाराणें। गांवकार, घाड
होमखणे। भोरो दवरून पयलें पेणें। करता
संसार-पाडव्याक।।२१।। मागीर म्हयन्या भराचो काळ

लाकडांचे दाळार दाळ। करूंक होमखणाचो जाळ। दाळटात बेस बरे।।२२।। शिरग्गांवांत फुलता जात्रेची रात। 'मोड' वडयता पेट्टी चंद्रजोत। मुड्डेर वतना धांवते स्थितींत। ते लाकडां-राशीर।।२३।। हळुहळु धुंवरेता होमखण। ते एकेच चंद्रजोतीन जाण। चमत्कार पळोवन जाता याण। जमिल्ले भक्तगण।।२४।। त्या होमखणाचो येदो हुलोप। पैसुल्ल्यान लेगीत सोंसना ताप। पूण लागशिल्लो वड साप्प। पान लेगीत हालयना।।२५।। काळजाक लागता धाप। तोंडांतल्यान फुटना जाप। रितें जाता पापाचें माप। चमत्कार हो पळोवन।।२६।। फाफशिल्ल्या रखरखीत इंगळ्यांतल्यान। धांवतात धोण अेका फाटल्यान। अेकामेकांचेर करतात ताण। हो साक्षात्कार जाण सायबिणीचो।।२७।। साप्प थोडे वेतात चलून। इंगळे, फुलां जाल्ले भशेन। भोव बरे मौजेन। गजर करीत

सायबिणीचो।।२८।। धन्य ती सायबीण। धन्य ति
भक्त धोण। विसरून कुडी-भान। वेतात जे चलू
होमखणांतसून।।२९।। फळादीक जाल्यार आंगवण
आपूण जातलों धोण। सांगून घेतात भक्तगण। मनोम
सायबिणीलागीं।।३०।। जात्रेच्या दुसऱ्या दिसा सावन
देवी कौल दिता. घरानघर भोवन। लोक मोडाक दिता
भौमान। प्रत्यक्ष सायबीण समजून।।३१।। तुळशी लाग
मांडून पाट। रांगोळ्यो घालून करतात थाट। दिवल
पेटोवन भरतात व्हट। श्री लईराईची।।३२।। शेणा
सारोवन आंगण। शिरगांवचे लोक सुजाण। म्हेडी, चुट्टांचे
माटव जाण। घालतात घरा सामकार।।३३।। 'अतिथ
देवो भव' ही ओपार। शिरगांवकार करतात साकार
परकी मनशाक लेगीत येवकार। दितात घसघशीत
बरो।।३४।। शिरगांवचें खंयचेंय घर-निवास

ळख-पाळख नासतना करता उठबस। आदर-सत्काराक ओतो भोव बेस। येता जात्रेचे ते पांच दीस।।३५।। पूण गुड्डू रवळूक माल्लो मद। बळयां दिलीना मोडाक शाद। आयकून आयकलोनासो केलो साद। त्या दुश्ट बुद्धी मनशान।।३६।। अवसराक देवीच्या तिश्टत उवरून। तळय धाडली वावराडे हातान। तीय बी कळाव लावन। 'ग'ची बाधा जाल्ल्या गुड्डून।।३७।। अवसरान वावडून बेतकाटी। आडवारली ताची तळय-व्हटी। देवीन बहिश्कारिल्ली ती मठी। कोसळून पडली दिशीं-मार्शी।।३८।। गोंयचो फांकिवंत चित्रकार। श्री रघुवीर मुळगांवकार। श्री लईराईच्या कलशाक आकार। दिलो सोबीत चित्र रंगोवन।।३९।। श्री लईराईचें सुंदर सोबीत मुखामळ। फाटल्यान कोरीव प्रभावळ। वयर किर्तीमुख प्रबळ। सत्रे सकल।।४०।। कळसाचेर वेंटाळें वेडायल्लो

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002699



नाग। ना ताचेर एकूय दाग। पळौन म्हणपाक
भाग। 'अती सुंदर'।।४१।। नाकांत रत्नजडीत न
आंबाड्याक फांतयेची साथ। कानांत डुली लखलखी
सोबता बऱ्यो।।४२।। गळ्यांत भांगर-शिंगरांचो ह
हातांत कांकणांचो शृंगार। बोटांत मुदयो सुंदर। दो
हातांच्या।।४३।। आंगार गाढ पाचवो शालू। चमक्यां
हळदुवी देगू। कळसाचे कुशीक दोग नागू। तिश्टत
सदांकाळ।।४४।। दावो पांय भितर दोडून। उजवो भा
सोडून। उजवो हात हड्डचार दवरून। सांगता 'ह
आस्तना भिनाकात'।।४५।। फाटल्यान होमखणा
आभास। वयर निळसर आकाश। मांडी मोडून बसपा
तुजी खास। लकब तोखणायेची।।४६।। श्रीलईराइ
मानतात पार्वतीचो अवतार। मुड्डी नांवांचे दोंगुल्ले
येवचे आदीं रावली शीमेर। मुळगांव-शिरगांवच्या।।४७



व्हापशेंच्या तारी वाड्यार। रावता दुसरी भैण मिराबाय। मेराबायची जाली मिलाग्र। बाटाबाटी वेळार।।४८।। मेलाग्र सायबिणीक। भजतात हिंदू लोक। आंगवण गावयतात फेस्ताक। अजूनय ते।।४९।। मयें गांवची माबाय। कुडणेंची केळबाय। मोरजेची मोरजाय। भैणी लईराईच्यो।।५०।। लईराईची निमणी भैण अदादिपा। पाताळांत वचून बसली तपा। आयलीना ती नांवा-रुपा। हे धर्तरेर।।५१।। खेतलो एकुलतो एक भाव। 'वांयगणें' ताचो गांव। ताणें व्हेलें नांव। भैणींवरी।।५२।। लईराईचे जात्रे वेळार। धाट्टात मोगरे कळे, हार। भाव खेतलो, भैणी साबार। भोव नमळायेन।।५३।। ह्यो भेटी भोव आदरान। स्वीकारता व्हडा मनान। शिरगांवकार गांवकारा हातान। करून तांचो भौमान।।५४।। चूक-माक भोगसून आगळें उणें। घाडयान घालतगीर गारणें। 'मोडा'चेर

अवसर येणें। घट्टा बेगोबेग।।५५।। गाराणें घालू
जातगीर। कळस दवरतना मोडाच्या माथ्यार। अकस्मा
वीज बंद पट्टा साबार। देवळांतली।।५६।। देवळांतली
बंद पट्टा वीज। देवळा भायर मात वीजेचें तेज। ह
कुवाड्या फाटलें कारण-काज। खबर ना अजू
कोणाक।।५७।। वाजतात ताशे धोल। पांच प्रदक्षण
घालून गोल। अवसर नेटान उखलता पावल। वचूं
होमखणासरीं।।५८।। धोल-ताशांच्या तालार। धो
करतात गजर। अवसर सरता मुखार। श्री लईराईच्
गजरांत।।५९।। लोक आपाप सरता फाटीं। येता
पळोवन दिवटी। वाजता ती आयकून बेतकाटी।धोणांच्
हातांतली।।६०।। पावनाफुडें सांकवार। तांबड्या फुलांच
हार। बेगोबेग शेंवटिता भार। आंड्या रुखा
देंवचाराक।।६१।। आमोणें गांवचो हो देंवचार। रावता

सांतीनाच्या रुखार। लोक थंयचो जाल्लो बेजार। ताच्या करण्यांनी।।६२।। ताका तांबडचा रगताचोच ध्यास। लोकांनी केलो लईराईचो उगडास। 'सोंपोवंचे देंवचाराचे त्रास। सासणाचे'।।६३।। शिरगांवच्या देंवचारान। श्रीलईराईचे आज्ञेन। त्या देंवचाराक भुलोवन। हाडलो शिरगांवां जात्रे दिसा।।६४।। 'हांव आस्तना कित्याक भिता। तुका जाय जाय तें दितां। आंब्या रुखारच राव, येतां। रोखडोच'।।६५।। वाट पळोवन येता ताका वीट। घेवंक बदलो आडायता देवीची वाट। 'घे तुजें तांबडें, सोड वाट'। फुलां मोखता तांबडीं।।६६।। देंवचार तांबडचाक फटवता। झुकी मारून देवी वेता। ही फटवण दर वर्सा जाता। पूण देंवचाराक येना शाणेपण।।६७।। जात्रे दिसा जाता लघुरुद्र। व्हटी भरप, तुळाभार। आंगवणीचे कळे साबार। ओंपतात श्रीदेवीचे

चरणासरीं ।।६८।। बेतकाटी नाचैत पांच फेरे देवळा
उप्रांत सभामंडपांत जाय नाचूंक। असो नेम आ
कडक। नव्या धोणाक।।६९।। 'होस्सय होस्सय'च
कुयो आयकून। धोणांचें नाचप देहभान विसरून। हेरां
दिसता नाचन। सायबिणी सामकार।।७०।। होमखण
उडोवन चंद्रजोत। देवी बद्द वचून न्हाता तळयेंत। हे
तळयेचे तीन पोशे कळसांत। घालतात मोग
कळ्यासैत।।७१।। ब्रम्ह्याचे घुमटेक घालून प्रदक्षण
देवी चट्टा मुड्डेवेल्या मंदिराचीं सोपणां। मान दि
आपल्या आद्य ठिकाणा। दिवन कौल चौगुल्
वरवीं।।७२।। देवीचो कौल घेना बराबर। आगळें
तेज धोणां-आंगार। तोंडान करीत नामाचो गजर
मुखार सरतात अग्निदिव्य करूंक।।७३।। धोक्यां
घालतात आपलो प्राण। किस्कूटय बादना अग्निनारायण

हें देवी प्रतापाचें लक्षण। जाण ही खूण साक्षात्काराची ।।७४।। जल्माक येवन हें भव्य। पळोवचें अग्निप्रवेशाचें दिव्य। वर्णूंक असमर्थ म्हजें काव्य। श्रीलईराईची ही सासाय।।७५।। 'वडा आयलें चडावावेलें पेड। सगळे धोण उज्यांतल्यान वतगीर सोड। जावंचे आदीं फातोड'। हुकूम जाता मोडाक।।७६।। होमखणांतसून वतगीर मोड। घेवन कळसाची दोड। उजो पेट्टा ताडमाड। प्रखर प्रज्वलीत।।७७।। शिरगांवचें एक आगळें भूषण। हांगा कुकड, दुकर पोशिना कोण। जात्रे दिसांनी सामकें शिवराक खाण। सोऱ्याक मातूय आफुडनात।।७८।। 'सुटल्यार म्हजो सोरो। होमखणांत घालीन भोरो'। इतलेंच मागल्यार पुरो। जाता खरो दृढनिश्चय।।७९।। जातलो जाल्यार धोण। खर बरी निवळसाण। लग्न जावनय आंकवारपण। राखचें पट्टा पांच दीस ।।८०।।

श्रीलईराईचें देवस्थान जागृत। पुर्तुगेज सरकाराचे
जोडलें जैत। तडीक पावलोना तांचो बेत। जात्रा बं
करपाचो।।८१।। देवीच्या मोडाकूच बंदखण। मार्गी
पेटयतलो कोण होमखण। पोलीस बंदोबस्तान माल
ठाण। होमखणा लागीं।।८२।। शिरगांवकारांचेर आयल
आकांत। देवीचो मोड बंदखणीत। कळस, मोडाच्य
विरैत। वाजत-गाजत आयले होमखणालागीं।।८३
भक्तगण थंय पावनासरीं। अकस्मात पेटली होमखण
सारी। 'देवी, सासाय तुजी खरी। बुद्ध शिकयली ब
फिरग्यांक'।।८४।। हेवटेन कादयेंत वचून पळैत। मो
बसला शृंगार कळे मिरैत। जावन भोव अजापीत। जा
शरणागत चूक मागून ।।८५।। असोच आनीक ए
चमत्कार। घडलो एका उत्सवा वेळार। शिरगांवचो लो
साबार। जमिल्लो पळौंक कार्यावळ।।८६।।

इतल्यान पिंपळा-रुखावेल्यान। जिवाणें पट्टगीर लोक सल्ले पेल्यान। फाटोफाट करकर जावन। पडलो पिंपळा खांदो जमनीर।।८७।। पिंपळा-खांदो पडचे आदींच। देवीन केल्ली पुराय तजवीज। शिरगांवकारांचे भक्तीचें चीज। केल्लें श्रीलईराईन।।८८।।। अैन वेळार वाटायले भक्तांक। चमत्कार तुजे अनेक। अशेच सगल्यांक राख। दिवन बरी देख सगल्यांक।।८९।। श्रीलईराई माता। आंगवणीक पावता। मागता तें तें दिता। बरें-भलें।।९०।। अख्ख्या सप्त कोंकणांत। शिरगांवची जात्रा गोंयांत। आपुण आस्तना भिनाकात। सांगता हात मारून छातयेर।।९१।। तूं मायेस्त माउली। तुजे कृपेची सावली। जांकां जांकां गावली। तांची जीण जाली धन्य।।९२।। महामाया तूं साक्षात्कारी। आदिमाया अवतारी। शिव-शंभूंची नारी। दिस्ता भारी सुंदर।।९३।।

येतात शिरोडें, आरोंदें, सावंतवाडी। मालवण, वेंगुर्ले
रत्नागिरी। सदाशिवगड, कारवारी। भक्त भा
श्रद्धेन।।९४।। मानसे वाड्यार। जातीन जो म्हा
ताका पयलो अधिकार। कौल घेवपाचो।।९५।। आम
भक्तीचें ल्हार। काडुंया वैर वैर। विसरून दुस्मानका
-वैर। घालून भार देवीचेर।।९६।।धन-दुडू, मान भौमा
भलायकी, आयुश्य, संतान। जें जें मागशी दान। तें
तुज्या पदरान लईराई कृपेन।।९७।। जंय उबी लईरा
सायबीण। थंय दुःख रावना एक खीण। धादोस जा
जीण। रिणाविणें।।९८।। आंकवारीचें जमता लग्न
भुरगें नाशिल्ल्याक संतान। कश्टतल्यांक दुडू-धन। तुजे
कृपेन।।९९।। आमडून म्हजें हांवपण। चडय मोक्षा
सोपण। वच्चो न्हय एकूय खीण। ईश्व
स्मरणा-वीण।।१००।। मन दवरून थाऱ्यार। घालिनास्त

WORLD KONKANI LIBRAR

Accn No : 002699

वाऱ्यार। वाचल्यार फुलतलो चवर। जण अका आंगार।।१०१।। पेटोवन पण्टी, निरांजन वो उजवात। आसनमांडी घालून बसात थीर-शांत। श्रद्धेन श्रीलईराई स्तोत्र वाचात। मंगळार, शुक्रार, पंचमीक।।१०२।। श्रद्धेन स्तोत्र वाचतलो जो कोण। ताका गावतली भक्तीची खाण। उल्याक पावतली हें बेस-बरें जाण। श्रीलईराई आई।।१०३।। ह्या स्तोत्राचो सुवास। परमळचो ऐसपैस। इतलीच दी भास। मागता हो दास सुहास।।१०४।। हांव फकत निमित्ताक कारण। स्तोत्र रचतना पुराय शरण। तुजें तुकाच करतां अर्पण। धरून श्रीचरण मनोमन।।१०५।। निमाणें दिस्ता मागन। शणै गोंयगुरुंचें सपन। जावंचें म्हुण पुराय पूर्ण। म्हाकोंकणाचें।।१०६।। दमणगंगा ते गंगावली न्हंय। म्हाकोंकणांत आस्पावन घे गे माय। हें वरदान आमकां जायच जाय। प्रताप तुजो

दाखय बेगोबेग ।।१०७।। श्रीनवदुर्गा-चंद्रेश्वर दा
कुशबनवासी कवी सुहास। सोंपयता भोव-बरें सुरबु
श्रीलईराईमाता स्तोत्र ।।१०८।।

ॐ शांतिः शांतिः शांतिः

शुभं भवतु

।। श्रीलईराईमातार्पणमस्तु ।।

।। श्रीलईराईमाता की जय ।।

.....

कवीः श्री सुहास ©सौ. शांतला सुहास दलाल
१ ली आवृत्ती प्रतीः तीन हजार
अुजवाडावपीः 'प्रतिभा प्रकाशन', संस्कृती संगम, कुशबन,
केपें- गोंय, महाकोंकण. दूरध्वनीः २६६३९९
अक्षर जुळणीः कामत प्रकाशन, कुडचडें
उजवाडणेची तीथः मंगळार, वैशाख शुक्ल पंचम
विक्रम संवत २०५९, ६ मे २००३
श्री लईराई मंदीर, शिरगांव - गोंय

कवी सुहासाच्या लिखणेंतसून देंविल्ली सरस्पतः-

१) श्री चंद्रेश्वर स्तोत्र १९६२
२) उमाळो कविता संग्रह १९६३
३) श्री दामोदर-स्तवन
१ली आवृत्ती १९६४
२री आवृत्ती १९७२
३री आवृत्ती १९८५
४) काणी काणी कोतवा
(भुरग्यांखातीर काणयो) १९६४
५) श्री मंगेश-महात्म्य १९६५
६) श्री शांतादुर्गाख्यान १९६७
७) बंडांचो पेटलो उजो
(गोंयच्या बंडांचो इतिहास) १९८४
८) श्रीसत्यसाई आनी श्री शिरडीसाई हे एकूच
(भाशांतर) १९८५
९) श्री गुरुनानक चरित्र २००३

ना प्रकाशनाचीं हेर पुस्तकां :-

१) कोंकणी एकांकिका - श्री. चंद्रकांत पार्सेकार
२) निमित्ताक कारण - कै. पुंडीबाब दांडो
३) श्री अभंग-आरती संग्रह..... सप्टेंबर १९६५
४) श्री गणेश-पुजा, आरती, अभंग, स्तोत्र संग्रह

या भायर दिवाळी १९६५ ते दिवाळी १९९० मेरेन १
मळ' वर्सुकी विशेषांक, 'परशुराम' ांद्रशीचे ३ आं
ा 'सुदर्शन' सातोळ्याचे ३ आंक उजवाडाक आयले

मुळावी कोंकणी शाळा

शणै गोंयबाबांच्या जयंती दिसा " श्रीगणेशा" जाता.

हावेस



दी, कोविद)

५७.

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. _____ _____

1. Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in a way shall have to be replaced by the borrower.
2. Bo sued can be recalled at any time, if necessary

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

प्रतिभा प्रकाशन :

संस्कृति - संगम, कुशबन, केपें गोंय चीं फुडलीं प्रकाशनां

२३. श्री गोकर्ण गणेश म्हात्म्य
२४. श्री सत्यसाईगुरु चरित्र, संदेश, वचनां..
२५. लोकनायक जयप्रकाश नारायण (चरित्र)
प्रो. शाम वेरेंकार
२६. श्री रामनाथ - स्तोत्र
२७. भारत-भोंवडी (१लो वांटो)
२८. सुवाळो (गीत - संग्रह)
२९. काणी काणी कोतवा (२रो वांटो)
३०. श्री नवदुर्गा - स्तोत्र
३१. श्री मल्लिकार्जुन - स्तोत्र

मुखचित्र: रंगसम्राट कै. रघुवीर मुळगांवकार
छापणावळ: बांदेकार ऑफसेट, कुडचडें ✆२६५००३४ मॉल : रु. ५/